*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**ज्येश्ट नागरीक सांबाळ कायद्याविशीं उच्च न्यायालयान दिल्ल्या निर्णयाचेर बसकेत चर्चा**

ता. 24 ऑक्टोबर 2019

ज्येश्ट नागरिकांच्या कल्याणा बाबतीत श्री. जतीन रमय्या हांणी गोंय सरकाराआड दाखल केल्ल्या याचिका अर्जाचेर मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान 24 सप्टेंबर 2019 दिसा दिल्ल्या आदेशाचेर चर्चा करपा खातीर आयज दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयांत जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय हांच्या अध्यक्षतेखाला बसका जाली. बसकेत उच्च न्यायालयान दिल्ल्या आदेशाक पाळो दिवपा संबंदीच्या प्रस्नांचेर चर्चा जाली.

बसकेक समाज कल्याण संचालक श्री. पराग नगर्सेकर, प्रोव्हेदोरियाचे संचालक श्री. विनायक वळवयकार, भलायकी सेवा खात्याचे मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. रूपा नाईक, केपेंचे उपअधिक्षक श्री. किरण जे. पोडवाल, समाज कल्याण खात्याचे उपसंचालक श्री. सांतान फर्नांडिस आनी दक्षिण गोंयांतल्या संबंदीत तालुक्यांचे उपजिल्हाधिकारी हजर आशिल्ले.

बसकेत उलयताना जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय हांणी पालक आनी ज्येश्ट नागरिकांनी दाखल केल्ले विनंती अर्ज निकालात काडटना संबंदीत उपविभागीय अधिकाऱ्यांनी पालक आनी ज्येश्ट नागरीक सांबाळ आनी कल्याणकारी कायदो 2007 च्या नेमांक पाळो दिवपाचो आदेश दिलो.

प्रोव्हेदोरियाचे संचालक श्री. विनायक वळवयकार हांणी दक्षिण गोंयांत प्रोव्हेदोरिया वतीन चलोवपात येवपी पाच वृध्दाश्रमातल्या सुविधांची म्हायती दिली. शाळां आनी महाविद्यालयांच्या विद्यार्थ्यांच्या सहभागान वृध्दाश्रमानीं वेगवेगळ्या कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येता, अशेंय तांणी सांगले.

भलायकी सेवा खात्याच्या प्रतिनिधीन खात्यावतीन वेगवेगळीं भलायकी केंद्रां आनी जिल्हा हॉस्पिटलान ज्येश्ट नागरिकांक दिवपात येवपी सेवेची म्हायती दिली. वृध्दाश्रमांतल्या ज्येश्ट नागरिकांक सेवा दिवपा खातीर भलायकी सेवा खात्यान कंत्राट पद्दतीचेर दोग डॉक्टरांची नेमणूक केल्ल्याचे तांणी सांगले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/733

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA